**राज्यपालान कॅन्सर आनी डायलिसिस दुयेंतींक अर्थीक मजत भेटयली**

ता. 30 ऑगस्ट 2024

राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज राजभवनार आयोजीत कार्यक्रमात राज्यपाल निधीतल्यान 272 कॅन्सर आनी डायलिसिस दुयेंतीक अर्थीक मजत भेटयली.

ह्या वेळार उलयतना राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी देशाची जनता ही सर्वेसर्वा आसून लोकप्रतिनिधींनी आपली जापसालदारकी वळखून लोकांची सेवा करपाक जाय, अशें सांगलें.

सैमीक दायज यात्रा यसस्वीरीत्या पुर्ण केल्या उपरांत आता गोंयच्या दोंगराळ आनी रानां वाठारांनी भेट दिवन अशां वाठारांनी रावपी लोकांच्या जीणे पद्दतीचो अभ्यास करतलो, अशें राज्यपालान सांगलें. तशेंच अशां वाठारांनी रावपी लोकांच्यो समस्या सोडोवपाचो यत्न करतलो, अशेंय तांणी सांगलें.

राज्यपालान कॅन्सर दुयेंती बेगीनातल्या बेगीन दुयेंतातल्यान बरें जावपाची प्रार्थना करून कॅन्सर दुयेंत आता पुराय तरेन बरे जावपाक शकता आनी ते खातीर दुयेंतींनी काळजी करपाची गरज ना, अशें सांगलें. अर्थीक मजती खातीर अर्ज केल्ल्या सगळ्या अर्जदारांक अर्थीक मजत भेटयल्या, अशेंय राज्यपालानसांगलें.

राज्यपाल निधीतल्यान गोंयांतल्या गरजवंत कॅन्सर, डायलिसिस आनी हेर दुयेंतीक अर्थीक मजत दिवपा खातीर राजभवना वतीन सुरू केल्ली ही म्हत्वकांक्षी येवजण आशिल्ल्याचेंय तांणी म्हणलें.

गोंयची प्रथम महिला श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई हांचीय ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली.

सुरवातीक राज्यपालाचे सचीव एम. आर. एम. राव हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो.

संदेश गडकरी हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/461

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.